# लोकसंपर्क अधिकाऱ्यांनी आपल्या खात्याविशीं सकारात्मक प्रतिमा निर्माण करपाक जाय- म्हायती सचीव

ता. 30 सप्टेंबर 2019

लोकसंपर्क अधिकाऱ्यान लोकांकडेन बरो संपर्क दवरून आपल्या संस्थेविशीं लोकांमुखार सकारात्मक प्रतिमा निर्माण करपाक जाय, अशें म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. रूपेश कुमार ठाकुर हांणी आयज परवरे सचिवालयांत सरकारी खातीं आनी स्वायत्त संस्थांच्या लोकसंपर्क अधिकाऱ्यांखातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान आयोजीत कार्यशाळेचे उकतावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

लोकसंपर्क अधिकाऱ्यांनी लोकांचेय मत जाणून घेवपाक जाय. लोकसंपर्क अधिकाऱ्यान आपल्या कामाकडेन प्रामाणिक आनी तत्पर रावन लोकांचो विश्वास मेळोवपाक जाय. प्रसार माध्यमांक अचूक माहिती दिवपाक जाय. लोकसंपर्क अधिकाऱ्यांनी सामाजीक माध्यमांचोय योग्य उपयोग करपाक जाय, अशेंय श्री. ठाकुर हांणी सांगले.

ज्येश्ठ पत्रकार श्री. अश्विन तोंबट, पत्रसूचना कार्यालयाचे उपसंचालक श्री. विनोद कुमार, गोवा शिपयार्डचे लोकसंपर्क अधिकारी श्री. नखिल वाघ आनी कोंकण रेल्वे महामंडळाच्यो लोकसंपर्क अधिकारी लिवरा डिकुन्हा हांणी कार्यशाळेत सहभागी लोकसंपर्क अधिकाऱ्यांक वेगवेगळ्यां संबंदीत विशयांचेर मार्गदर्शन केले.

सुरवेक म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाच्यो संचालीका श्रीमती मेघना शेटगांवकर हांणी येवकाराच्या उलोवपात लोकसंपर्क अधिकाऱ्यांनी आपल्या खात्याविशीं बरी प्रतिमा निर्माण करपाक आपली भुमिका कशी निभावप हे विशीं मार्गदर्शन करप हो कार्यशाळेचो उद्देश आशिल्ल्याचे सांगले.

म्हायती अधिकारी श्री. जॉन आगियार हांणी निमणे उपकार मानले. श्री. श्याम गांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/649

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA